**Panaji Regional 25th January 2026 7.25am**

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 130वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

-------------------------------------------

चिंबल तोयार तळ्याचें सर्वेक्षण कालच्यान सूरू जाले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी चिंबल ग्रामस्थ हांचे मदीं बुधवारा जाल्ले बसकेंत चिंबल तळ्याचो प्रभावीत वाठार निश्चीत करपा सयत युनीटी मॉला मेरेनच्या जाग्याचें सर्वेक्षण करपाचेर एकमत जाल्लें. बसकेंत थारिल्लें प्रमाण अधिकारी शुक्रारा सर्वेक्षण करपाक आयिल्ले. अधिकाऱ्यांनी फकत सर्व्हे नंबर ४०/१ चें सर्वेक्षण करपाक सुरवात केल्या आनी तळ्याचो मुखेल भाग हो दुसऱ्या सर्व्हेंत येता म्हूण थळाव्यांनी वाद घालो. ह्या वेळार अभियंते प्रमोद बदामी, गोंय जैवविधताय मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. प्रदीप सरमोकादम, एनआयओचे तज्ञ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सरकारच्या युनिटी मॉल प्रकल्पाआड ग्रामस्थांचे आंदोलन सूरू आसा.

-------------------------------------------

मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान दक्षीण गोंय जिल्हो वेंचणूक अधिकारी कार्यालयाच्या समन्वयान आज 25 जानेवारीक सकाळी 11.00 वराचेर फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदीरात राज्य पांवड्याचेर राष्ट्रीय मतदांर दीस कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले. मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, राज्य वेंचणूक आयुक्त मिनिनो डिसौझा ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले. "म्हजो भारत, म्हजे मत" हि अंदूच्या राष्ट्रीय मतदार दिसाची संकल्पना आसा आनी 'भारतीय लोकशाहीच्या केंद्रस्थानी नागरिक' हे ताचे tagline आसा.

-------------------------------------------

गोंयच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान उत्तर गोंयच्या जिल्हो वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या समन्वयान आज 25 जानेवारीक सकाळीं 11.00 वरांचेर डोना पावला, सीएसआयआर- नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफीच्या, एस.झेड. कासिम, सभाघरात, १६ वो जिल्हो पावडयावेलो राष्ट्रीय मतदार दिस आयोजित केला.
उत्तर गोंयचे जिल्होधिकारी/जिल्हो वेंचणूक अधिकारी अंकीत यादव, हे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले.

--------------------------------------------

राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांच्या उपस्थितीत काल लोक भवनात 'लोक भवन दर्शन' भोंवडेक पांचवो बावटो दाखयलो. हाका लागून गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळा (जीटीडीसी) संबंदीत लोकभवन भोंवडेक परतून सुरवात जाली.
ह्या कार्यावळी उपरांत लोक भवन परिसराची एक मार्गदर्शित भोवंडी आयोजित केल्ली.

--------------------------------------------

दक्षिण गोंयचे खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडीस हांच्या थळाव्या खासदार निधी येवजणेंतल्यान गोकुल्डे-केपे हांगाच्या श्री दयानंद बांदोडकार शाळेक नवी बस दिली. हे बशीचें उक्तावण खासदार फर्नांडिस हांणी केले.

--------------------------------------------

हरीद्वारच्या पतंजली योगपीठ उपरांत गोंय सरकाराच्या सहकार्यान आमी गोंयात पतंजलीचें सगळ्यांत व्हडलें wellness center बांदपाचे आसात अशे बाबा रामदेव हांणी पणजेत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. गोंय सरकाराक wellness center खातीर थेरपिस्ट आनी दोतोरांचीय गरज आसा -हाचे खातीर व्हड प्रमाणांत वेवस्था करतले. बाबा रामदेव हाचें "योग फॉर ऑल, योग फॉर सोल ह्या संकल्पनैचेर गोंयच्या IAS,IPS, तशेंच सरकारी अधिकाऱ्याखातीर काळ पणजेंत योग सेतुचेर सत्र जाले.ह्यावेळार ते भलायकी आनी निरोगीपणाचेर उलयलें.

--------------------------------------------

भारत सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या गोंयांतल्या केंद्रीय संचारण ब्युरोन (सीबीसी) पणजेच्या 'मेरी इमॅक्युलेट गर्ल्स हायस्कुलांत' राष्ट्रीय चलयो भुरगीं दिसा निमतान एक खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडली. चलयांचे सशक्तीकरण आनी शिक्षण ह्या विशयाचेर कार्यावळींत भर दिल्लो.

--------------------------------------------

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 33-34 डिग्रीस celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 19-20 डिग्रीस celcius आसपाची शक्यताय आसा.

--------------------------------------------

गोंय आनी बडोदा ह्या पंगडां मदली 23 वर्सा पिराये सकयली सी के नायडू अ गटांतली चार दिसांची मॅच दुस्या दिसा उमळशीक वाडोवपी स्थितींत पावली.
सांगेंच्या जीसीए मैदानाचेर मॅच चालू आसा. बडोदा पंगडाचो पयलो डाव 6 बाद 275 धांवड्यां वयल्यान 298 धांवड्यांचेर सोंपयल्या उपरांत गोंय पंगडान दुसऱ्या दिसाचो खेळ सोंप मेरेन 9 विकेटी व्हगडावन 221 धांवड्यो केल्यात. अशे तरेन गोंय अजून 77 धांवड्यांनी फाटीं आसा.

--------------------------------------------